# मौन शब्द

एन. बालकृष्ण मल्या



आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे

# मौन शब्द

## एन. बालकृष्ण मल्या

## आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

**Maun Shobdh** - *A collection of Konkani poems written by* ***N. Balakrishna Mallya****, edited by* ***Valley Quadros*** *and digitally published by* ***Ashawadi Prakashan****.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

| | |
|---|---|
| First Edition | : 2023 |
| Copies | : NA |
| Cover | : Ashawadi |
| Layout | : Enigma, Goa |
| Pages | : 64 + 2 |
| Price | : Rs.150 |

## Contact

**Publisher: Ashawadi Prakashan**

**Email**: ashawadi@gmail.com

**Mob/WhatsApp**: 7021967880

# एन. बालकृष्ण मल्या



१९७४ मे म्हयन्यांत ३ तारीकेक कोच्चींतु चेरळाय वठारांत वी. नारायण मल्या आनी एन. रमा बाय हांगेलो तिसरो पूत जावनु जन्मलो. श्री. एन. सुरेश चन्द्र आनी श्री. एन. नवीन चंद्र हांचे म्हालगडे भाव.

कोच्चीचे तिरुमल देवस्वं हैस्कूळांत धाव्यांत उत्तीर्ण जाले उपरांत कोच्चिन कॉळेजांत दाखील घेवनु प्री डिग्री काडली. ते उपरांत इंदिरा गांधी मुक्त विश्वविद्यालयांत (IGNOU) शिकून बीकॉम दर्जो प्राप्त केलो.

२०१० क 'सेंटर फॉर हेरीटेज मोन्यूमेन्ट स्टडीस' संस्थेन हांचें प्रथम पुस्तक "होरतूस मलबारिक्कूसुम कोंकणिकळूडे पंगुम" (मलयाळम) उजवाडाक हाडलो. कोच्चींत डच शासन काळार मलबार देशांतुले वनस्पतींचीं नांवां आनी उपेगाचे पासून कोंकणीचे ३ वैद्यांनी १२ वॉल्यं पुस्तकांत कितें योगदान दिलें म्हूण ह्या पुस्तकांत वाचूक मेळता. २०१२ क ह्या पुस्तकाचे आंगलेय भाषांतर प्रकाशन जाल्यां.

२०१३ क पी.जी. कामत फौंडेशना तरपेन हांचो प्रथम कोंकणी कविता संग्रह – "जीव संकल्प" उजवाडाक येयलो.

केरळ कोंकणी अकादमीन उत्कृष्ट गद्यसाहित्य कृतीक दिवंचो "पंढरीनाथ भुवनेन्द्र पुरस्कार" २०१४ वर्षा "द्वारकावासी अथवा 'दोरके' – एक विश्लेषण" म्हणु हांचे शोधपत्राक फाव जालो.

२०१९ वर्षा हांचो दुसरो कोंकणी कविता संग्रह "आत्मगत" उजवाडाक आयलो. हे पुस्तकाक २०२० चो डॉ .टी .एम.ए. पै फाऊंडेशन उत्कृष्ट पुस्तक पुरस्कार प्राप्त जालो.

२०१३ धोर्नु अखिल भारतीय स्तरार चलून येवंचे संमेलनांत हांणी भाग घेता आसाय. "स्पन्दन", "निर्माण", "वैष्णव रत्न" आदी कोंकणी मासिक, कोंकणी वार्षिक "दीपांकुर", आनी "भंगारभूंय" कोंकणी दिनपत्रारीय हांच्यो कविता आनी लेखनां छापून आयिल्लीं आसाय. आतां कोच्चींत चलून येवंचे प्रतिमास कविसम्मेलनांत हांनीं भाग घेऊन तांची कविता प्रस्तुत करता आसा.

हे एक चित्रकार बी आसात. कोच्चीचे विख्यात चित्रकार श्री. दिनेश आर. शेणय हांचे खालय आनी दोन वर्सां 'इंड्यन स्कूल ऑफ आर्ट्स' हांगाय हांणी चित्रकलेचो अभ्यास केलो. हांका ज्योतिष ज्ञानांतूय व्होड अभिरुची आसा. मित्रांली कुंडली चोवंपय हांचे विनोदांत एक.

# मांडावळ

०१ सूत्रांत बांदिल्लो पुतळो
०२ बरेयल्यां कितें तितलेंच
०३. कळता आसल्यार
०४ काळखांतुलो प्रश्नु
०५ घुसपागोंदळ
०६ मनां धर हीं तत्वां
०७. जीवंत विचार
०८.उलवूंक विसरलोलो मनीशु
०९. कवीली विनंती
१०. आयका देवा
११. धृतराष्ट्र
१२. तुजीं पापां फाटी घेतलीं
१३. सुकती–भरती
१४. तोच प्रश्नु
१५. मौनाचीं उतरां
१६. हृदयाची भास
१७. आतांय खंयीच पावलोना
१८. धर्मचक्र गुंडलता
१९. लोकाची वळखी
२०. आमची कोंकणी
२१. प्राण खाशी गो
२२. स्वर्गापशी व्हडली भास
२३. दीव्याचे मुखार
२४. म्हजे किसांतु दुड्डु असा
२५. फाय फुल्लेवंचीं सपनां
२६. मौन शब्द
२७. देवु खंय विजयु थंय
२८. तुमीं येयांय स्वागत हांगा
२९. थांब्लो ना विद्रोह शब्द
३०. तुजी वाट हांवय गे पळयतां
३१. ब्रह्म सत्य लोकु फट
३२. तो दिस
३३. तशी न्हय तें म्हळ्यार
३४. म्हजे मित्र
३५. दिवाळीची रातींतु
३६. तूं हास हासचाक
३७.वाकतें हृदय
३८. भांगराची घोण
३९. सूण्याचें बाल
४०. त्यो मात्र सादर केल्यो

# ०१ सूत्रांत बांदिल्लो पुतळो

विमानार साकून उडक्यो मारून
मोडाक चिरून गुडळून घूंवका
घोण्ये सारकें पंखां विस्कळावून
मस्तीन मळबार उबून दाखोवंका

आतां म्हळ्यार नुतोच बेसून
काळु कवळून वचचें चोयतां
क्षणभंगुर हें जीवन म्हणून
पुतळो सूत्रांत नांचून खेळतां

हाता-मुष्टींत लोकाक सिरकावून
दोळे दाखोवनु माथें बावगोवंका
पायमूळांचे खाल शत्रूंक सोसतावून
दिसचे वाटेर मनाक धावंडावंका

आतां म्हळ्यार माथें खरपून
पुराय सामकें जातलें म्हणतां
क्षण गेल्यार कांय येवंना परतून
सायळो ताजेच सूत्ताक गिळता

कष्टां सर्वय चिरडून किरडावून
चौदा लोकय हातार नांचोवंका
हारचो खेळूय झुझून जिखोवून
समयाक हत्ता-तालुवेर हारवोवंका

आतां म्हव्यार परणें आठोवून
सप्नांचे हांतणार सुषुप्त निदतां
काण्यांत नायक म्हूणतरी आसून
वेगळो राबून म्हाकाच पळेयतां

भयाकसरी भिसरावंनु बेसोवून
मृत्यूक मरणाचे तोंडात बळोवंका
देवांकआंबडून दूरा धावंडावून
समयाक दोरान बंदून घालोवंका

आतां म्हव्यार नुतोच बेसून
काळु गुलांट मारचें चोयतां
क्षणभंगुर हें जीवन म्हणून
सूत्रांत बांदिल्लो पुतळो नांचतां,
हांव, सूत्रांत बांदिल्लो पुतळो नांचतां

# ०२ बरेयल्यां कितें तितलेंच

एकेक सित्ता कणारि
बरेयल्या नांव एकेकल्यालें
एकेक खावंची उंडयेचेरि
आसा नांव खातल्यालें

मेळलें किती की मेळ्ळ्यां,
मेळकाच मू आसिलें
गेलेलें किती की गेल्ल्यां,
तें वचेंच तां आसिलें
आयलेलें येवंचाक आयलें,
गेलें वचाकय आसिलें
दिलें कितलें कि दिल्यां,
तितलेंच तुमकां बरेयलें

एकेक ओंटाक चुमून
फुल्लां म्होव एकडे मू केलें
एकेक मूसांत म्हव्व्यार योग
आसल्यानी तें खेलें

पिकचें मुर्थं काडलें तर
फळ आंबूस तां आसतलें
पिकलें म्हणु जल्यार मागीर
हातांत तें वेगळ्यांलें
मूंय्यो खातच वतलीं,

चानीयान खावनूय तें घालें
दिलें कितलें कि दिल्यां,
तितलेंच तुमकां बरेयलें

एकेक क्षण वेळेन बदलता
समय एकेकल्यालें
एकेक दळीद्र उणें निमिषान
जियता जीवित रायालें

कळलें कोणाक की कळल्यां
माथ्यार विधीन थापिल्यां
बरेयलेलें तशीच जाल्यां,
तें जावंचाकच तां आसिलें
जावंचे तशीच तां बरेयल्यां,
विधींत अशीच तां जातलें
दिलें कितलें कि दिल्यां,
तितलेंच तुमकां बरेयलें

# ०३ कळता आसल्यार

रडका कशी म्हूण कळता म्हाका
कळना आसा जाल्यार हासताच आसतोलों
हासुका कित्याक म्हणु कळना म्हाका
कळता आसल्यार रडताच आसतोलों

सांगलें हांवें म्हणु तुमीं कैऱ्यान काडू नये
मनांत आयिल्लें कितेंय सांगताच आसतोलों

मरूंका कशी म्हूण कळता म्हाका
कळना जाल्यार खोशीन जितलो आसतोलों
जियूंका कशी म्हूण कळना म्हाका
कळता आसल्यार केदनाच मेलो आसतोलों

सांगलें हांवें म्हणु तुमीं कैऱ्यान काडू नये
हृदयान भोगिल्लें कितेंय सांगताच आसतोलों

नुतोच बेसूंक तेंवय कळता म्हाका
कळना आसल्यार बोब्बो घालताच आसतोलों
उलोवूंका कशी म्हूण कळना म्हाका
कळता आसल्यार केदनाच मोनो आसतोलों

सांगलें हांवें म्हणु तुमीं हृदयार काडू नये
तोंडार आयिल्लें कितेंय रडताच आसतोलों

राबका कशी म्हूण कळता म्हाका
कळना म्हूण जल्यार चलताच आसतोलों
सांगका कशी म्हूण कळना म्हाका
कळता आसल्यार मागीर सांगनाच आसतोलों

सांगलें हांवें म्हणु तुमीं हृदयार काडू नये
हृदयान सांगिल्लें कितेंय सांगताच आसतोलो

# ०४. काळखांतुलो प्रश्नु

मुर्थम एक दिसा एकलो हांव बेसलों
ध्यान धरिलो प्रश्नु म्हणु निमगीलों
कोण की हांव, खंय थकून आयिलोलों ?
आवसु कोण म्हजो, कित्या हांगा पावलोलों ?

प्रश्न एकेक विचारलों, अर्थु ना जाणलों
हृदयांतु बुडडलों, निमगीताच राबलों
शरीर कि हांव ताजे ऊंच म्हणु अशिलों ?
रूप किती म्हजें आकार कित्याक धरलोलों ?

सत्य एककडेन ना लोकांतु हांव दिक्कीलों
सत हें सत्यान मनांतु कोण करतोलो ?
मायेचे सासु हातान बंधनांतु पड्लोलो
जीव मू हांव कशी मुक्ति मेळूंक उठतोलों ?

प्रश्नु व्हड असिल्लो अंत जावंनातील्लो
गोंदोळांत पडनु घुसपलों, उत्तर कोण दित्तोलो ?
श्वासु एक ओडलो, मनाक बांदून राबेयलो
काळखांत पळेयलो, म्हाकाच जाण जालों

## ०५.घुसपागोंदळ

प्रश्नांचे उत्तर सोदता सोदता
प्रश्न खंयचे म्हणु हांव विसरलों
पूण आनीयेक फावट सोदतां
कसलें उत्तर म्हणु विसर गेलों

किती निमगिल्लें तुमकां कळता
जाण किती म्हण हांवय कळलोलों
पूण आनीयेक फावट चिंतितां
प्रश्न उत्तर हांव दोन्नीय विसरलों

प्रश्न आयकतना उत्तर दिसता
उत्तर सोदता प्रश्न म्हणु आठेयलों
पूण आनीयेक फावट विचारतां
उत्तर प्रश्नावर दिसून चकित जालों

उत्तर उबारून भारी कष्ट जाता
प्रश्नांक काडल्यार खाल पडतोलों
पूण आनीयेक फावट ध्यान दितां
प्रश्न उत्तरांचे गोंदोळांत घुसपलों

# ०६. मनां धर हीं तत्वां

हो दुड्डू खंय राबता, पुसून दामु वता
स्वयं नाम आठता, रूप तर पिसूडता
येयलेकलोच, हंयसून एकलो तूं वोचुका
मनां धर हीं तत्वंच तुका शांती दित्ता

ही खोशी खंय राबता, एक हासान निपता
उजांत चाम लासता, हाड्डापुड्डी ना व्हरता
येयलेक उद्देश्यान भूंय खोणत सोद्दूका
मनां धर हीं तत्वंच तुका शांती दित्ता

हें सुख ऊब जाता, दुःखां जावनु बदलता
परत परत दिसता एकच चक्र मू चलता
येयला कित्या हंय तें मात्र विसरू तूं नाका
मनां धर हीं तत्वंच तुका शांती दित्ता

हो काळु वेग चरता, तुझे म्हणचें सर्व गिळता
वेंचून किती कि मेळता तांतु मन लागोवंका
येयलो लोकांतु हें शिकूक कोळनु पोरतुका
मनां धर हीं तत्त्वंच तुका शांती दित्ता

# ०७. जीवंत विचार

निमिष अनुनिमिषांक
तुक्कूका पडतलें
श्वास निश्वासांक बारीक
लेकूका आसतलें
काळाचे कंकाळाक
बुद्धि बळान मेजतलें
किती नेणं आसलेंलें
अत्तां किती जाणं जालें

हें कोण विचारतलें, जीवन सफल जातलें
ना जाल्यार धुळयांत वायट धुवरांत वत्तलें

शब्दांचे स्पंदनाक
गाढ मौनांत आटेयतलें
द्दष्टाक द्दश्यांतु द्दष्ट्येन
मांदून घालतलें
प्रश्नांचे घुसपल्ले जालांत
थकून भायर आयलें
नेणं भारी आसलेंलें
थोडे जाण बी जातलें

हें कोण करू चोयलें, जीवन पुराय जिखतलें
ना जाल्यार कोयरांत खाल फोंडांत वत्तलें

मनांत उदेले एकेक
विचारांक गांटूका पडतलें
हृदयांत खवदळले
विकारांक शांत बेसेयतले
जीवित एक फावट लागी
शिकूंया म्हणु चोयतले
कितले वेळ चुकले
कितले फांता कि सम केले ?

हें कोण विचारतले, जीवन तांचे सफल जालें
ना जाल्यार जीवंत म्हळ्यार मरून ना जातले

# ०८. उलवूंक विसरलोलो मनीशु

मनीशु मनशालागी उलवूंक विसरलो...

वळख आसूनूय वळख ना दाखेयलो
तोंडावर उतरांक गिळपाक सोदलो
अक्षरांक पुंजावून जुळणूंक विसरलो
कळत आसूनूय नाकळत राबिलो

मनीशु मनशालागी उलवूंक विसरलो...

दर्पणांत वेगळो अर्धकुटो दिसलो
मुखार तो आयलो, अस्पष्ट दिकलो
तोच म्हूण जाणतच दिकू ना जालो
फोडद्या मागल्यान कालकांत निपलो

मनीशु मनशालागी उलवूंक विसरलो...

सावळी सांगता, तूं न्हय मिगेलो
हांव असल पूण तूं एक नकलो
रूप तुजेंच पूण तूं न्हय आसलो
हृदयांत भीतर मू कोण की वेगळो

मनीशु मनशालागी उलवूंक विसरलो...

जीवन जीयता, ना खंय थांबलो
ना कोण तागेलो, ना तो कोणालो
हृदयांतुले भाव ना कोण दीकिलो
कोण म्हण केवल्याक ना तो कळेयलो

मनीशु मनशालागी उलवूंक विसरलो...

# ०९. कवीली विनंती

स्थान खंयचोय नाका मोह कसलोच ना
कविता वाचूंक एक मंच दियाय म्हाका
इतलोच तुमचो समय, चड हांव कडचो ना
म्हजी उतरां दवरूक थायु दियाय म्हाका

कविता वाचलीं तुमीं, आडवण घालचो ना
आनिकय वाचात पूण आयकाय तुमीं म्हाका
हृदय भार म्हजो ना तर भायर येवंचो ना
म्हजी कविताय म्हणूंक वेळ दियाय म्हाका

आयकलों हांव तुमची हृदयाची वेदना
दोळे भरनु आयले तें आयकतच म्हाका
तुमीं वाचलीं कवनांची तुलना साध्य ना
म्हजे विचार म्हव्यार सांगूंक आसा म्हाका

पीडपीड मन म्हजें कांय तर उपायु ना
बरेयलें कवन एकच म्हणूंक दियाय म्हाका
आसाय चार उतरां, व्हड कांय बरेयले ना
सादर करूंक पुणीय अवसर दियाय म्हाका

# १०. आयका देवा

हांवें सांगचें आयका देवा
तुवें म्हजेर कोपू नाका
लोकांत संकवाचे मद्दें
म्हाका सोडून वोचू नाका

तुजे पायां पडता सदा
तुजे विना कोण म्हाका
आस तुजेच घेवन आसा
म्हजो विश्वास तोडू नाका

विनती म्हजी आयका देवा
वर कांय नाका म्हाका
हृदय दीप जळताच आसो
काळखांत एकलो घालू नाका

धर्म–शास्त्र–ग्रंथ तत्व
कोण शिकोवन दिवंचे म्हाका
पथराक फुला गंध येता
स्वतः आसका म्हणू नाका

भक्ती–ज्ञान ध्यान देवा
इल्लेंतरी कळना म्हाका
तुजें नांव जपताच आसा
म्हाका विसरनु वोचू नाका

हांव तुजो तूं म्हजो
वेगळे कोण ना मू म्हाका
तुजे शरण आयिल्लो आसा
वेगळें आनी कांय नाका

# ११. धृतराष्ट्र

दोळ्या मुखार सत तें दिखना
दोळे दम्पून बेसला
कानां दिसता शिशें रकेयल्या
कांय ना तूंवें आय्कला

बायलांक कूडे दुड्वां मोलना
पूत्तांक मत्यार बेसैला
कळतासून तुका ज्ञान कसलें ना
केस वतांतु पिकला

धर्मारक्षेक बोट हालेय्लेना
कदेल घट्टीन धरला
म्हांताऱ्या तूं एक-वस्तु जाणललो ना
कांय ना तूंवें शिकीला

पांडून तुका राष्ट्र सोपिलें ना
मेलो तो म्हण बेसला
पांडूपुत्तांक राज्य सोपिलें ना
मरोय ते म्हण आशेय्ला

तुजे पुत्तांक एक बी गुण मू ना
तांचेर मोगु कसला
पुत्तां मोहान तुजो उद्धारु ना
ते व्हडून वाय्ट केला

पांडूपुत्तांन युद्ध आणेय्ले ना
जायिम्हूण तूवें घाला
शेंकेपुत्तांत उरलोलेकोलो ना
पिंड दिवूं कोणाला

बापासत पुत एकय जिवंत ना
रान्ना उज्जां तूं मेला
मुष्टींत धरील्लें केवलें उपेगा ना
हात उद्दारि तूं गेला

# १२. तुजीं पापां फाटी घेतलीं

रामायणांत क्रौंच पक्षी
आतां गर्भिण हस्तिण परेन
आनी जियूंक दिवना तुका !
तुजीं पापां फाटी घेतलीं....

पोटा भुकेन तानेन तीणें
खाणाक आशेवून पळेयली
आप्याप मारलो कित्याक ?
तुजीं पापां फाटी घेतलीं....

एकेक सीत्ता कोण्याक तूवंय
वळवळेवनु रडत भोंवतोलो
आनी खाणाचे बद्दल, पळय !
तुजीं पापां फाटी घेतलीं....

हृदयांत चंगपण तेंवंय
पापाचे कुंडांत पडून गोब्बोर
कितलोच व्हड म्हळ्यारीय !
तुजीं पापां फाटी घेतलीं....

मनीसा ! तुगेले भावंडं तांनीं
कळून तांचेर स्नेहु ना कित्याक ?
कर्मान जाता मनीसु, याद दवरि!
तुजीं पापां फाटी घेतलीं....

# १३. सुकती–भरती

गुण आनी दोष कसलें सोद्दच्यान्तु
गुण तिनीय आसा मेळसून लोकांतु
सकळय गुणवंत दोषासय सगटांतु
खरें खंयचें, वायट कसलें चोवंचांतु

सात्विक, राजस, तामस स्वभावांतु
सुकती–भरती पाळांवरी समिन्द्रांतु
येयले मर्दिन परत वतलीं प्रकृतींतु
मोल दिवंचाक युक्ती कांय ना हांतु

रूप उभरलें दरिया खाराचे उदकांतु
प्राण फुंकलो खंय मिटाचे बावल्यांतु
देवलें तें मेजूक पट्टीय घेवनु हातांतु
ल्हार मारल्या वेळ परतूक दरियांतु

फुगे उदेल्याय चोय पावसाचे उदकांतु
विंगविंगड रंगाचे, चंद आसय रूपांतु
कितले समय वरतले ते वाऱ्यांतु ?
फुलेतच फूटतले, ना जातले शून्यांतु

समयु दिला केन्नाय वाजता हर्यांतु
कोळका वेळु, कालचक्राचे खेळांतु
जिवूंका सामकी, शिकूंका चुकियांतु
जिखून, जीवन सार्थक करूंका तांतु

# १४. तोच प्रश्नु

उलो बदल जाता
रूप नवें धरता
उत्तर सोद्दून मेळ्यारिय
प्रश्न तशीच राबता

आग्रह नवे उभरता
लक्ष्य बदल जाता
मार्ग उकतें जल्यारीय
वांकुडे तशीच चलता

मन एकेक मेकळता
नवे गुपस्यो पडता
गुपसी सोडता मगिरीय
गांटी तशीच राबता

पुण्य जोडता सरता
पाप चडता वाडता
तीर्थ स्नान केल्यारीय
चिकोल तशीच राबता

दाट ग्रंथ वाचता
व्हडलीं कैरीं कळता
लोक भोवंनु चोयल्यारिय
अज्ञान तशीच झळकता

लोकांत जीवूंक येता
आमचो म्हूण आठेयता
कितलेय येवून गेल्यारीय
लोकु तशीच घुवंता

प्रश्नु कोण समजता
कोण उत्तर सोदता
सोद्दीलें कशीकी जल्यारीय
प्रश्नु तशीच राबता

# १५. मौनाचीं उतरां

युद्धांत सांगिलें विजयालागी
अवतार हांव घेताची
जेदना धर्माक कष्ट जातलें
तेदना परतून येताची

साधूंक राकूक मारून दुष्टांक
व्हावंतलों न्हंय रगताची
सत्य जिखतलें धर्माचें मागीर –
राज केदनाय आसताची

आनी कोण करतले विश्वास
तुजीं उतरांक हीं मौनाचीं ?
धर्मु घेत्तोलो गळपास
आनी वाली वाडतली फटयेची

सत्याक लागतली कळकी !
अपकीर्ती जातली धर्माची !
तूंवें हात सोडलो जाल्यार
वाट वायट जातली लोकांची

भरी सभेंत द्रौपदीक अपमान
दुशासन कापड मेकळताची
माथें बावगुन राबल्यायि पांडव
कसली विधी ही धर्मरायाची ?

आनी कोण धरतलीं वाट
जाप ना जाल्यार सत्याची ?
जणं खूब करतलीं परिहास
तुजे निर्बल आमी भक्तांची

सासु हस्तियां बळ आसलो
गदा खाल पडली वे भीमाची ?
कुरुक्षेत्राचे रणभूंय सोडनु
कितें धावलो वे सव्यसाची ?

खंय निपलो पांडवांतु धरुर्धारी
शक्ती गेली की गांडीवाची ?
माद्री पूत शूर वीर आसय
तांची धार गेली की खांड्यांची ?

आनी कोण करतले विश्वास
तुजीं उतरांक हीं मौनाचीं ?
आनी जन करतलीं उपहास
तुजी शरण आयलेलीं भक्तांची

सांज निप्पली काळोख भरला
भिणभीण राती ही उमासेची
मारता वारें हलता दिवली आमचे हृदयांत विश्वासाची
उळदीता आशिल्ले तावळीय
तुका सासु नावान मोगाचीं

आनी कोण करतले विश्वास
तुजीं उत्तरांक हीं मौनाचीं ?
पात्थरांत हृदय ना जाल्यार
हीं उत्तरां सब्बाव व्यर्थाचीं

# १६. हृदयाची भास

हांवय मनीस न्हय की ?

मन आसा म्हाकाय
तुमचे वरीच म्हजेय
मनांत विकार आसाय

लोक कळील्ले तुमीं
कळचे म्हाकाय सांगाय
हृदयाची भास हांवेंय
सांगतां तुमींय आयकाय

दुःखाचे कांट्या हांतूण
अंगार घाय पडल्याय
जीवित भोगिलें हांवेंय
जाणलों लोकु हाकाय

कष्टां सहून जाणलों
हें कळचें आसो तुमकांय
हृदयाची भास हांवेंय
सांगतां तुमींय आयकाय

आग्रहां मशणा कट्यार
भाजून भाकर खेल्याय
दुख्खान न्हंय्यो व्हावंताय
रगतान दोळे भरल्याय

पीडा कितली दिताय
कळता सगट तुमकांय
हृदयाची भास हांवेंय
सांगतां तुमींय आयकाय

हृदयांत खोंचिताय खंजर
अस्त्रां चडून तोपताय
सत्य संगता जाल्यार
जीवंत दिसता लासताय

हृदयांत आशिल्लें सामकीच
तुमचे मुखार दवरल्यांय
हृदयाची भासेन मेगेलीं
उतरां तुमीं आयकलांय

# १७. आतांय खंयीच पावलोना

ल्हारांत पडोवन सोंसेयलो
गिरंगुट घुवळेंत घुवेंयलो
जीवन दरियांत हलत धुलत
आतांय खंयीच पावलोना

उदकांत पोंवची मासळ्यो
तांनी म्हाकाच पळेल्यो
हासत सांगलें तुवें उदकांत
हातय पायय मारली ना

मोंचूव मोलाक आणेयलो
व्हलो पाणींत हालेयलो
खरें, म्हळ्यार खुंटाक मांदली
दोरिये कोट्टू मेकळो ना

समिंद्रांत मोद्दें पावेयलो
तीरार पावयेत आशेयलो
मोद्दें वाटेर पांवत पांवत
समय सरललो कळलो ना

कितलेश युगांत धावंडायलो
जन्मांत मरणांत भोंवडायलो
कर्मा फोंडांत फसत फारकत
आतांय खंयीच पावलोना

# १८. धर्मचक्र गुंडलता

दूर सर, वाट दी पळे ! धर्मचक्र गडगड येता
धर्माचे आड कोण राबता तांचे वयल्यान चढता
विजय भेरी आयकू पडता, शंख नाद वाजता
आठ दिकाय गुडी उबेयल्या, धर्मचक्र गुंडळता

धर्म समच वाटेर चलता, कोण तें अनुसरता
धर्म शास्त्रांत सांगल्यां ताका धर्म रक्षा करता
धर्मा आड तूं राबल्यातरी धर्म तुका बुडेयता
धा दिशेंत भेरी आयकू पडता, धर्मचक्र गिरगिरता

कितले येवून गद्दीर बेसले, कितले आनी बेसता
कितले महाभारत हंय चललें, युद्ध तशी चलता
धर्माचे वाटेर कोण सरता, विजय तोच पावंता
धर्मा मार्ग कोण ना सरता धर्मचक्र गोळ दळता

समयु कोणाक राकून ना बेसता, संकटांकय गिळता
अल्पकाळ जीव हंय राबता, कळचे कळनु जिखता
जीऊं परेन धर्म रक्षा करुका, मृत्यु शरीराक आसता
मृत्यू ऊंच धर्म रय्यालें राज धर्मचक्र गडगड येता

# १९. लोकाची वळखी

गोडफळ विष म्हणूंयासूंयेता
अमृत तें कोडू आसूंजावुयेता
पोकळासतली लोकाची वळखी
आठेय्लें कितेंय तें वेगळेंचासूंयेता

दिवडू तो हांजो आसूंजावुयेता
हांजो न्हय सोरेपु म्हणूंयासूंयेता
पोल मेळतलें लोकांतु सत्याचें
सोद्दिलें कितेंय तें फटी जावूयेता

काळग्यालें हृदय धवेंचासूंयेता
पथराचे भित्तर मोवू जावूयेता
हारवून वचत ह्येमर्दी वळखसल्यार
चोवंचें एकेक तें न्हयींचासूंयेता

सूर्याचे संमुख सावळी नांचूयेता
रात्तींत सावळीक अस्तित्व नासूंयेता
सत्य मेकळता वे सोद्दिलें जाल्यार
मेळचें तें ताजें समकें विरुद्धासूंयेता

# २०. आमची कोंकणी

भारताची अप्रतीम भास आमची कोंकणी
करश्यात भेदु कसलोच उत्तर वा दक्षिणी
भारी चंद बोल सगळ्यांत बरी आमची कोंकणी
बरो देशु कोंकणची आई मायि सायबिणी

पोरणे काळ म्हस्त कष्ट सहन केल्ली कोंकणी
भोरनु पावटी गोंदोळांतु झुझल्ली ती रणांगणी
पुर्तगाली शासनाखाल रक्षा नासली कांयपुणी
मोरचेवरी जीयून पोणजे, पडले भिण्ण बंदखणी

तरि सोडले ना मू तांनी कष्ट सहलें शेंगुणी
परके गेले देश सोडून मुक्त जाली कोंकणी
वर्सां मागीर मराठीची भिन्न बोली ही म्हण्णि
पुराय मेकळी भास काडन उडाव्नु अडावणी

हेर भासेची आतां सावळी न्हय मू कोंकणी
कार्यकारी राज्यभास गोमंतकी म्हवू वाणी
राष्ट्र संविधान मान्यताय दिल्लीली कोंकणी
सर्वतंत्र स्वतंत्र भारताची ही शिरोमणी

## २१. प्राण खाशी गो

प्राण खाशी गो, म्हाका द्रोहु दिशी गो
हांव आनी कोरुका किती म्हूणु सांग गो...
ओ बायले, देवातरी

तूं संगील्यार केदनाय मतें हल्लेय्तां
व्हय वे न्हय वे चोयना, तुकाय कळता
बुद्‌दुस बाबडो केलो तुवें बोम्म्यावरी
बली चडूक माळा घालेले बोक्डावरी

जिवु काडशी गो, एक श्वासु खेळता गो
हांव आनी पय्यां वे पोडुका सांग गो....
ओ बायले, देवातरी

तूं निमगिल्यार मुक्कार तवळीच हाडेय्तां
जाय वे नाका वे चोयना, तुजेर सोडतां
पीरी फिरफिरी जल्लें मतें भोव्रावरी
सुरू पीवनु विच्वान चबिल्ले मांकडावरी
प्राण खाशी गो, म्हाका द्रोहु दिशी गो
हांव आनी कोरुका किती म्हूणु ....सांग गो....
ओ बायले, देवातरी

# २२. स्वर्गापशी व्हडली भास

अम्मावरी दिस–राती आमकां कोण व्हडयली ?
कोण आमी म्हणु आमचे कोण जाणोन्‌ु दिलीली ?
कोणाचे सावळेंत आमी सापनां चोवू शिकीलीं ?
खंयची की ती भास सांगा स्वर्गापशी व्हडली ?

गंगा किती स्वर्गार थकून भुयेर व्हळूक लागली ?
हींवय पुण्य नदि आमचे पाप क्षयाक आयलीली
कितली चांग ती म्हव्यार उतरां उणें जातलीं
खंयची की ती भास सांगा स्वर्गापशी व्हडली ?

जाल्लेपटी अम्माचे उल्यां थकून मेळलीली
हृदयांत देवून एकेक स्पंदन म्हण जावनु गेली
स्वासांतूलो स्वासू ती विचारांत घट्टी बेसली
खंयची की ती भास सांगा स्वर्गापशी व्हडली ?

उलेय वेगवेगळी भास पूण, म्हणूं नाका विसरलीं
मायेची ती मोगाची मायभास म्हणलेली
म्होवावरी गोडशी न्हय वे मातृभासा आमगेली ?
कोंकणी ती भास सांगा स्वर्गापशी व्हडली

## २३. दीव्याचे मुखार

गा काळूका चडासुन्ना तुजो हो प्रभावु
आनीयशि केदनाय चलचें साध्य न्हयि
हठ धरि कितलेंच पूण धावंका हंय सोड्नु
उजवाडु येतलो शून्यासून चेतासचें

भिणभीणि दाटासूंयेत तुजें हें शरीर
काळ म्हस्त जाले जावूयेत तुजें दमन
सत्य मुखार येवंचे क्षण निपुका शून्यान्तु
प्रकाशु उदेतलो हें नित ज्ञातासचें

लोकु भरनु तुजी भिस्रांवची काणीयो
अंत ना भयान शेळवोतूय ना मनां म्हणु
घट्टि पड्चें न्हय वचूका येयलीली वाट
दीवो जळू लागता क्षणान हें चेतासचें

भांगराचें ताट धरिल्यार दीव्याचे मुखार
चारी दिशा कळकां केद्राय राब्रा खंडित
दीव्या मुखारिसून मुखवटो सरता केद्णा
उजवाडु भरतलो हाजें ज्ञातासचें

# २४. म्हजे किसांतु दुड्डु असा

किती जाय तूं सांग...
म्हजे किसांतु दुड्डु असा
घर जोर व्हड चांग
वेगळें अशी म्हस्त असा

किती जाय तूं सांग...
म्हजे किसांतु दुड्डु असा

रौळारांत उद्योग
रय्यावर उठता बेसता असा
तिन्नीय वेळ राजभोग
खावनु सुखान व्यस्त असा

किती जाय तूं सांग...
म्हजे किसांतु दुड्डु असा

किती जाय तें माग
हाणु हातांत दित्ता असा
म्हाका तुजेरि मोग
सांगू गेल्यारी जास्त असा

किती जाय तूं सांग...
म्हजे किसांतु दुड्डु असा

फुल्लेलो मू अनुराग
हर्दें फडफड वाजता असा
प्रेम म्हण महारोग
हृदयपीडेन मरता असा

किती जाय तूं सांग...
म्हजे किसांतु दुड्डु असा

देवान दाकेयलो योग
भाग्य उदेनु हसता असा
दिलो तरी सहभाग
स्वर्गु भूंयचेर हाडता असा

किती जाय तूं सांग...
म्हजे किसांतु दुड्डु असा

*(किसांतु = बोल्सांत/खिशात)

# २५. फाय फुल्लेवंचीं सपनां

सापनां जायसा तुतलेंच चोवंचें
चोवंचें न्हायासो पुराय जावंचें
सपनां जावंनाशी किती म्हणचें ?
आजि न्हयतर, फाय–परां पुरतें जावंचें

कसलो प्रश्नासा हांतुं करचें ?
हासचे सपनांक जीवसयित पुरचें
बीयों रेंवांतु पुरतच रोंप येवंचें
रोंप्यांसून पल्ले फुटून राबचें

झाड व्हडचें, फुलचें आनी फळचें
आतां ओंपचें आजीच फळ मेळचें
अशी नासो केद्राय सपनां चोवंचें
आजि चोवंचें जाय फाय जावंचें

सपनांतु जायसा तुतलेंच पोवंचें
वाटकुळे मुत्वांक तुणटोवंचें
मोतियेची गळसऱ्यो गांतचें
उड्गासाचे पेट्टाऱ्यांतु धांपचें

# २६. मौन शब्द

उणेच सूख,
उणेच दुख्ख
हासान बांदिल्यार जीवित
एकडे जन्म,
एक सारखेंच मुख
हें कळता आसल्यार जीवित

उणेच हास,
उणेच परिहास
मौनान सांगल्यार पुष्पित
शब्दान कळेयलेलें
सकट विरस
कवनान सांगल्यार जीवित

रेंवांचे कणांतु
सूर्याची दिप्त–
राश्मियो पड्ल्यार उजवाड
निप्पून पडलेले
काळखांतु सुप्त–
दृष्टी ती म्हळ्यार आड

श्वासाचे ताळार,
स्वरांतु लिप्त
वाली वाडल्यार दाट झाड
सुकून पडलले
हृदयांतु लुप्त–
स्नेह म्हण आयल्यार लाड

# २७. देवु खंय विजयु थंय

रथीयो महारथीयो
प्रबल वीर सैनिक
अक्षौहिणींच्या भायर
सेना तांकां आसा
जिवितांतु केवलो तूं
रणांगणांत झुझूंक
देवु खंय की आसा
विजयु थंय तां आसा

मुखार राबल्यासय
गुरुजनं नी शिक्षक
ब्रह्मतेज अग्नि
प्रखर तांकां आसा
मनाक घट्टी दवरि
रण तूं जीत जावूंक
देवु खंय की आसा
विजयु थंय तां आसा

खड्ग चंद्रहास
प्राप्त जालेले दाष्टीक
ब्रह्मशिर हातांत
अस्त्र तांकां आसा
जय पराजयु आनी
नाका तूंवे चोवूंक
देवु खंय की आसा
विजयु थंय तां आसा

आठेयल्यार आसा वे
केवलो पल्लो हालूक ?
लोकु तो चलयता
हांव ना तूं न्हय आसा
नाशु जावूंक अधर्माचो
धर्म राज्य उदेवूंक
देवु खंय की आसा
विजयु थंय तां आसा

# २८. तुमीं येयांय स्वागत हांगा

केरळ देशु हो आमचो
नारळांचो देशु म्हणतांय
आपेयलो दिसना तुमकां ?
तुमीं येयांय स्वागत हांगा

माडयार फूल तीं फुल्लूनु
नाळीं गोंडि भर जल्यायि
माड्यांचो दोशु हो आमचो
तुमीं येयांय स्वागत हांगा

गांदाचे परम्बळ उसळून
मलय दोंगरा वारें मारता
जाणा तें कितें सांगता ?
तुमीं येयांय स्वागत हांगा

ताळांचे ओट्टु खेळच्या
पाळां किती उलयतांयि ?
म्हणलाय दिसता म्हाका
तुमीं येयांय स्वागत हांगा

थळथळ भांगराची वेळेर
सपनांक विकू घाल्यांय
देवाली भूंय आमची
तुमीं येयांय स्वागत हांगा

दोंगरां निदेल्या पूर्वार
समींद्रान धरल्या पश्चिम
मद्दें मोगा म्हजो देशु
तुमीं येयांय स्वागत हांगा

७०० वर्षां जालीं भायर
गोंय सोडनु आमचे पूर्वज
हें आयकून हांगा आयलीं
तुमीं येयांय स्वागत हांगा

# २९. थांब्लो ना विद्रोह शब्द

विसरचे ना, विसरूंक जावंना
हे बाग, ते याद विसरचे ना
विसर गेल्यार मागीर आमकां
हें देश माफ करचें ना

शंभर वर्सां मुर्थं लायलो उजो
तो सुन्न आत्तांय मू जालो ना
आमचे हड्डुयांत तोपिलो गुळो
तो भायर आत्तांय मू आयलो ना

ही वाट, हो थायु, रगतां निशान
कसलें तरी मू बद्दल्लें ना
इट्टिकेंक तोपून जालें बिळके
ते घाय आत्तांय मू भरले ना

हत्तामुट्टीन पावलान चिड्डून
गुळ्यान ठोकून बी भीयले ना
कंठात उठलो क्रांतीचो शब्द
गुंजून आत्तांय मू थांब्लो ना

तेन्ना शिंपल्लो रगताचो पाऊस
रंग आत्तांय मू आटलें ना
तांबडे गुरबा फूल्लांची दळां
व्यक्त जल्यांय मू हृदयवेदना

विसरप कशी, विसरूंक दिवंना
हे याद केन्नाय विसरूंक जावंना
विसर गेल्यार मागीर आमी
हें देशाचे म्हणूच उरचें ना

# ३०. तुजी वाट हांवय गे पळयतां

तुजी एक नदर पडल्यार
करपल्ले
झाडांचेर फुलतलीं सासु फुल्लां
तुजी एक दृष्टी आसल्यार
फात्थरांतूय
वज्रावर फूटतलीं सासु किरणां

कळूनूय मौन धरल्या किती तुवें
कसले कारणान सांग म्हजेलगी
आवय मोगाची आनी मायेची

पळय स्नेहान हंगा म्हाकाय,
तुजी वाट हांवय गे पळयतां

तुजे श्वासान चलत आसा हो
लोकु
मळबार सूर्य चंद्र तारक फुल्लां
तुजें आशिश मात्रेन शिंपियांतूय
चांदण्यावर उसळतलीं चंद्र
किरणां

जाणूनूय जाप दीयना कित्याक
कष्ट कितें जालें गे सांग तूं ?
आवय म्हजी जन्म जन्मांची

पळय मोगान हंय म्हाकाय,
तुजी वाट हांवय गे पळयतां

तुजे दोळ्याच्यो पत्यो हालल्यार
रायु धुळीयांत, रंकु गदीयेर
राऊळरांत
तुजे मुख विस्कळ जाल्यार
कोयरांतूय फूटतलीं चंद रंग
किरणां

वळखूनूय म्हाका पळेवूक
तोडव कित्याक सांग गे तूं
आवय म्हजे कोटी जन्म पुण्यांची

पळय करुणेन हंय म्हाकाय,
तुजी वाट हांवय गे पळयतां

# ३१. ब्रह्म सत्य लोकु फट

ब्रह्म सत्य लोकु फट
जीव ब्राह्माचे शिष्ट
भीतर सत भायर असत
हेंच ज्ञानाचें परिशिष्ट

दिव्याचे मुखार भांगरा ताट
काळूख भरला बलिष्ठ
सत कितें तें प्रश्नांतु गुपीत
उत्तर मेळचें भारी कष्ट

दुःखाचें घर भरनु संकट
हंय ना कोणय संतुष्ट
मन केदनाय माया मोहित
समयु गेल्यार जीवित नष्ट

कळत आसा ज्ञान सगट
सांगच्या गेल्यार अनिष्ट
अणु व्हड जाता तें महत
हेंच ज्ञानांत विशिष्ट

आकाशांतु उमती घट
आत्मा सर्वांतु घनिष्ट
कैवल्यांतु सगट समाहित
सगळ्यांतु ज्ञानच प्रविष्ट

# ३२. तो दिस

ऊंच राबचे देवांनो किती
चोयनाय खाल एक दिस
भूंयचे आमीं वासी तुमकां
पूजता आसाय मू दिस दिस
आमचे खातीर न्हय वे तुमीं
स्वर्गार गेल्याय एक दिस ?
न्हय जाल्यार येवंकाच खालट
मनांत दवरात तो दिस

विसरले तुमीं देवांनो असुर
राज करू अयिलेले दिस
स्वर्गाचे तुमीं हंय रानांत भयान
निपून भोवले रात दिस
नरक तुल्य जालें, तावळ
आमीं मात्र असले ते दिस
आतां विसरले तुमीं आमकांच
तर परत येतलो तो दिस

काळ्ळूक झट वोतोलो अशी
सांगलें तुमीं एक दिस
दिन तुमचो उजवाडांत,
काळखां जाले आमचे दिस
तुमकांय ग्रहण लागचो झट
करून येतलो एक दिस
स्वर्ग सोडून भूंयचेर जन्म
घेवंका जावंचो तो दिस

जोडलें म्हस्त पुण्यान जाले
आसूयात देव हे दिस
पूण पुसून वतलें पुण्यय क्षय
पांवतलें बळ दिस दिस
केन्नाय राबचे न्हय मायेंत,
सर्व क्षणिक केवळ एक दिस
सपन तुंटून गेल्यार परतून
भोगूका पडतोलो तो दिस

# ३३. तशी न्हय तें म्हळ्यार

लोकु तुवें दिकलोलो
व्हड जावूयात सांगल्यार
मळबार थकून पडतलो
व्हाडान तूं बोबो घाल्यार

मथ्यार मळब काडलोलो
घट्ट धरलो जावं फाटीर
लोकूच भीवन थरथरलो
चोवून कोपीलो तूं जाल्यार

पावलान आसो पावलोलो
भूंयचेर सकळ जाग्यार
हत्तांत काडणु पेललोलो
भूंयेक भुजाचे तुलार

तावळीच उप्पून काडतोलो
नदर खंयच बी पडल्यार
पीट्टो रोज्जु करतोलो
मेळना कितेंय बी जाल्यार

तशी न्हय तें म्हळ्यार
जाणूक तुका आसा म्हस्त
मनांत केलोलो म्हळ्यार
कळलें तूंवें आसा तुच्छ

तशी न्हय तें म्हळ्यार
कोळूक तुका आसा जास्त
दोळ्यान दिकलोलो म्हळ्यार
जाणलें तूवें आसा तुच्छ

# ३४. म्हजे मित्र

उलोवंक म्हाका
जाय तितलेच मित्र आसा
तुमीं आसतलेंच, कळता

पूण मागीर उलोवंक म्हाका
हंय जाय तितलेच मित्र आसा
झाड आसा, तण आसा
तणाचेर चडची मूंय आसा,
मूयचे देवळांत जात्रा आसा
तांचे फाटीर पालखी आसा
पालखींत तांचो देव आसा

हांव उळदिल्यार धावनु येवूक
मन दिवनु कितेंय आयकूक
पारळी आसा शिरलो आसा
वांकडे दोळ्याचो कावळो आसा
कुंभार आसा, गुरबजी आसा
सवणें आसा, चिमण्यो आसा
परवून घुवंचो परवसा
कोगूळ आसा, मधुर ताजो
स्वर आसा, स्वरांक औसून
हंयथंय
उबून नांचचें वारें आसा

सांगल्यार म्हाका
जाय तितलेच मित्र आसा
मळबार उबचें मेघ आसा
मेघान धरलेलें धोण आसा
धोणार उबची घोण आसा
वयर थाकून आयकू पडचो
अपुरबाये उलो आसा
घोणयेचें चंद पाखां आसा
पाखां विंदून दिवप आसा
उडगासाचे पन्नांत खंयच
नुतोच हांवें दवरप आसा

रात जाल्यार मागीर
म्हाका नीद आयना जाल्यार
राऊळीकांचे गीत आसा
चांदणें झळकल्यावरी
तांचे तोंडार खुशी आसा
सांगूक तांकां म्हस्त आसा
तणार नांचूक आपेयता असा
पावलां तांचे वेग दिकून
हांवय तशीच नांचप आसा

राती म्हव्यार फोडद्यार नाटक
काजूले उबची प्रथा असा
काळखाची दाटसाण वचाक
पोंज लसून भोवंप आसा
म्हजे दोव्ळ्या मुखार ताणीं
दिलव्ये नांच खेळप आसा
सपानांक पोट्टळी मांदून
ताणीं म्हाका दिवप आसा

उलोवंचाक म्हाका
जाय तितलोच समय आसा

हांव वळखूचे ते आसा,
ताणीं वळखुचो हांव आसा
रस्पती सांगूंक म्हस्त आसा
दुःख करगोवंनु सुख करूंक
आमकां हृदय संबंध आसा
आमकां ओट्टू स्नेह आसा
स्नेहान घोळलेलीं उतरां आसा

उलोवंक म्हाका हंय
जाय तितलेच मित्र आसा

# ३५. दिवाळीची रातींतु

झगझग शोभेल्यां
म्हाजे अंगणांतु
मोगा–फुलां फुल्लेल्यां
मोहाची ही रातींतु
आभेन झळकळल्या
मन काळजांतु
सासु दीवल्यो जळल्या
दिवाळीची रातींतु

तनमन उवाळल्या
स्पूर्ती आयली घरांतु
आग्रहां पूर्त जाल्या
ऐश्वर्यांची रातींतु
परण्या ऊंच सारेयल्यां
नवें रंग जीवितांतु
देविचे आशिष मेळ्यां
दिवाळीची रातींतु

हासून कळकळल्या
मंगळ ह्या वेळेंतु
खोशीन दीपां नांचल्या
सुखाची ही रातींतु
तुंटून तारे वर्षल्या
खाल भूंयेर ताणांतु
मळभ देवनु आयिल्यां
दिवाळीची रातींतु

विजय काडून घेतल्यां
कोण पळय लोकांतु ?
वायट धावून निपल्यां
हारवून गेलें युद्धांतु
काळखाचे दमन जल्यां
दिव्यांचे उजवाडांतु
विजय भेरी वाजल्या
दिवाळीची रातींतु

# ३६. तूं हास हासचाक

तूं मंद हासचाक फुलेलो मू हो रूकु
ना जाल्यार दुःखान करपून रावतालो
उजे हे वतांतु शेळवत घालनु वाऱ्यावर
ना जाल्यार भूंयचेर कोण की वरतोलो ?

तूं हासले निमिषाक चोय उदेलो इंद्रधोणु
ना जाल्यार भूंयचेर पावस खंय पडतोलो ?
मेघांनी धुंधुभी ताळ सयित वाजल्यावर
ना जाल्यार समयु हो निशब्द मू आसतोलो

तूं चंद हासचाक भरलो मू उजवाडु
ना जाल्यार लोकु काळखांत ना जातलो
नीळ ही निशेंत तारागणां हासल्यावर
ना जाल्यार उमासे काळूख मू भरतोलो

तूं हासले निमिषाक चोय गूंजलो घंटे नादु
ना जाल्यार देवळाचो उडगास ना येतोलो
मंत्र आनी वाद्यघोष मंगळारती समयावर
ना जाल्यार निस्तेज हे लोकांत मू जीतोलों

# ३७. वाकतें हृदय

आजी हांव कोणा लागीं
सांगूं नात्तील्लें
वाकतें अशीच
घालतां हृदय म्हजें

थोडे वेळ हांव
उल्लोव नात्तील्लें
नुतोच बेसला देकून
कितेंय चिंतून
बेसला म्हणूय
तुमीं आठयलें आसतलें

आजी हांव नुतोच कोणय
कळू नात्तील्लें
वाकतें विस्कळ
घालतां हृदय म्हजें

म्हळ्यार हांवें दोळे आड
करू नात्तील्लें
कुरवलों थंयींच तुमीं
येवंची प्रतीक्षेन
बेसला तशीय
दिसल्लें बी आसतलें

आजी हांव म्हजे लागींच
कोळोव नात्तील्लें
उकतें अशीच
घालतां हृदय म्हजें

आनी हांव आठोवनु कितेंय
म्हजेच लागी
उल्लोवंचे वेळार
तुमीं आयलेलें
कळू नात्तील्लें
बेसला सब्बाव
तशीय आठयलें आसतलें

# ३८. भांगराची घोण

मळबाचे सातवे माळेचेर
भांगराची घोण बेसल्या
रुप्याचे रुक्का खांद्याचेर
शांतीन थंयवर घर केल्या

तांती फुटून आयलीं समयार
दृष्टी ऊंच मळबार दवरल्या
विस्कळ तांचे पंखांचे बळार
फडफड तीं उबूंक लागल्या

मळबाचे खाल जाग्याचेर
तीणें सपनां डपावन घाल्या
मोडांचे मोव हांतूणाचेर
तांत्यांक तीणें निदायल्या

मळबाचे सातवे माळेचेर
माई ती आमकां राकून बेसल्या
पिल्लां आमी घोण ती भांगर
स्नेहान आमकां उळदील्या

तारकां हासतांय फुल्लांवर
सापनांक फुटूंक राकील्या
शब्द उणें चड जालें तर
रूप चोवंका म्हण आशेयल्या

मोहाचे हांतूण सोडून उबल्यार
लक्ष्य पावंचे निश्चित बरेयल्यां
सूर्याचे मंडळा भारी ऊंचार
भांगरा घोण्येक वचून मेळ्या

# ३९. सूण्याचें बाल

लोकु हो अशी न्हय जाल्यार कशी
स्वभाव हाजो अशीच आस्तोलो
बारा वर्ष नळयेंतु घाल्यारीय
सुण्याचें बाल नीट जावंचें ना

म्हाका जावनु लोकु हो चमकवूक
लोकु एकु नवो हांव करूका
लोकु अशीच म्हिजे मर्दीन आनीक
नवो जावनु करूक जावंचे ना

देवु तो लोकु हो सृष्टि करनु
नीद तो काडता न्हय जाण जा
हांव जावनु लोकु माथ्यार काडूनु
नवी वाट सोदून कांय जावंचे ना

तूं कित्या आयला हे लोकांतु ?
जाण जावनु लोकांतु भोंवता जा
वांकडें बाल सूण्याचें हल्लोवो तें
सामकी करू गेल्यार कांय जावंचें ना

# ४०. त्यो मात्र सादर केल्यो

मनांत आयिल्यो, म्हाका ज्यो दिसल्यो
तुमीं वळखतल्यो त्यो मात्र बरेयल्यो
खरेंच म्हव्यारीय बरेंच ज्यो आसल्यो
तुमचे मुखार त्यो मात्र सादर केल्यो

हृदयाक लागल्यो, मनांत ज्यो तोपल्यो
म्हज्यो आसल्यो त्यो आतां तुमच्यो जल्यो
म्हजे सभावा सारखें कसल्यो ज्यो आसल्यो
तुमचे मुखार त्यो मात्र म्हणून आयकेयल्यो

आतां परेन नुतोच निद्देता ज्यो आसल्यो
आपडून जागेयल्यो देकून त्यो उठायल्यो
म्हजे अंतरंगात उर्बेन येऊन ज्यो उदेल्यो
तुमचे मुखार त्यो मात्र काडनु दवरल्यो

काळजांत भरील्यो दुख्खान ज्यो रडताल्यो
तुमचे समुख येताच त्यो कष्टांभार मेकळ्यो
मनांत पंजीऱ्यांचे दार वाकतें ज्यो केल्यो
तुमचे मुखार त्यो मात्र प्रस्तुत केल्यो

# आशावादी प्रकाशनाचिं डिजिटल पुस्तकां

## ई–पुसतकां (२००५ थावन)

**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (२००५: कविता संकलन, कन्नड)

**लोकडावन** (कन्नड, नागरी, रोमी)

**पयणारी जर्नल** (कन्नड)

**पयणारी जर्नल** (नागरी)

**पयणारी जर्नल** (रोमी)

**सून्यो उदेला** (कथा संकलन: कन्नड)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (कन्नड)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (नागरी)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (रोमी)

**कथाविहान** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)

**कथाविहान** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)

**चल दोन चंद्रांक** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)

**चल दोन चंद्रांक** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)

**नवी दिशा** (मोनिका डे'सा, नागरी)

**अंतरनाद** (उर्जिता भोबे, नागरी)

**शिसिफूस तेंगशेर** (शैलेंद्र मेहता, कन्नड)

**इंद्रधोणू उदेंव** (उदय म्हांबरो, कन्नड)

**अंतरनाद** (उर्जिता भोबे, कन्नड)

**मनस्फोट** (सियालिनी फेर्नांडीस, नागरी)

**मनाचें नातें** (फिलोमेना सांफ्रान्सिसको, नागरी)

**पडसाद** (वल्ली क्वाड्रस, नागरी)

**पडसाद** (वल्ली क्वाड्रस, कन्नड)

**क्याथरीन रोड्रिगसाच्यो कथा** (कन्नड)

**सांकव** (वल्ली क्वाड्रस, नागरी)

**सांकव** (वल्ली क्वाड्रस, कन्नड)

**आपलो पर्की** (प्रसन्न निड्डोडी, कन्नड)

**आपलो पर्की** (प्रसन्न निड्डोडी, नागरी)

**फांत्यापाराचें सपण** (वाल्टर नंदळिके, कन्नड)

**छाबूक आनी हेर कथा** (रोनालड मोंतेरो, कन्नड)

**सत्यकाम** (आर.एस.भासकर, नागरी)

**तांब सुरया हांव** (प्रकाश द. नायक, नागरी)

**मायी** (सरस्वती द. नायक, नागरी)

**कवी आनी कविता** (शरतचंद्र शेणय, नागरी)

**मौन शब्द** (एन. बालकृष्ण मल्या, नागरी)

## आडियो पुस्तकां (२०१८ थावन)

**कथादायज** (२५ कथा)

**सुरयो उदेता** (२७ कथा)

**मायानगरी** (३२ कथा)

**सुरयो उदेला** (२७ कथा)

**कथामृत** (२० कथा)

**लोकडावन** (कवितेंचें आडियो पुस्तक)

आशावादी प्रकाशन

AP

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे